Panaji NATIONAL 3 OCT 2026 AT 8.40 AM

- निस्वार्थ सेवा ही भारताची संस्कृती आणि सभ्यता/विषयक मूल्यांच्या केंद्रस्थानार आसा अशे नवी दिल्लीत आयोजित '११ व्या संत ईश्वर सन्मान-२०२६' सुवाळ्यात उलयताना उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी म्हणले
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी HANI कॅप्टन स्मित मच्छार हांचेकडे दूरध्वनी वेल्यान संवाद साधलो आणि इस्रायलकडे वचपी 'फ्लायदुबई'च्या विमानाक जमनीर आपटुपाचो कथित यत्न निश्फळ करताना त्यांनी दाखयील्ले धैर्य आनी प्रसंगा/वधानाची तोखणाय केली.
- अमेरिकेतल्या MILWAUKEE हांगा जाल्या जी-२० VEPAR मंत्र्यांच्या बसकेच्या समारोपा वेळार, भारतान जागतिक व्यापारातल्यो विकृती पयस करपाक डब्ल्यूटीओ-अनुरूप दृष्टिकोनाचे आवाहन केले
- निदान, उपचार आणि THERAPY यांसारख्या वैजकीय क्षेत्रांमदी रोबोटिक्स एक महत्त्वाचे साधन जातले अशे सोसायटी ऑफ रोबोटिक सर्जरी (SRS) च्या आंतरराष्ट्रीय परिषदेत उलयताना केंद्रीय विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री जितेंद्र सिंह हाणी म्हळा.

VP 110

निस्वार्थ सेवा ही भारताची संस्कृती आणि सभ्यता/विषयक मूल्यांच्या केंद्रस्थानार आसा अशे नवी दिल्लीत आयोजित '११ व्या

संत ईश्वर सन्मान-२०२६' सुवाळ्यात उलयताना उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी म्हणले. देशातल्या महान संत आणि विचारवंतांनी लोकांक 'स्व'च्या संकुचित सीमांच्या पलतडी वचुन हेरांच्या कल्याणा खातीर स्वतःक समर्पित करपाची प्रेरणा दिल्या. देशा खातीर दिल्या असाधारण योगदानाबद्दल सगळ्या पुरस्कार जैतिवंतांचे अभिनंदन करताना तांणी म्हणले की, हो पुरस्कार निस्वार्थ सेवेच्या भावनेचो गौरव आणि भारताची संस्कृती आनी जबाबदारीचो उत्सव आसा. उपराष्ट्रपतींनी सांगले की, देशाच्या प्रगतीत प्रत्येक नागरिक हो एक महत्त्वपूर्ण भागीदार आसा 'स्वच्छ भारत अभियाना'चे उदाहरण दित त्यांनी सांगले की, या उपक्रमान हे सिद्ध केला की 'जन-सहभाग' एखाद्या सरकारी कार्यक्रमाचे रूपांतर लोकचळवळीत कशे करू शकता. विकासा वांगडा करुणा, चारित्र्य आणि सामाजिक जबाबदारीची जोड आसची, अशे आवाहनय उपराष्ट्रपतींनी केले.

PM SMIT 110

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी HANI कॅप्टन स्मित मच्छार हांचेकडे दूरध्वनी वेल्यान संवाद साधलो आणि इस्रायलकडे वचपी 'फ्लायदुबई'च्या विमानाक जमनीर आपटुपाचो कथित यत्न निश्फळ करताना त्यांनी दाखयील्ले धैर्य आनी प्रसंगा/वधानाची तोखणाय केली. भारतीय हे हेरांचे प्राण घेवपी न्हय, तर हेरांचे

प्राण वाटावपाक स्वतःच्या जीवाची बाजी लावपी अशे प्रधानमंत्र्यांनी म्हळे. शेकड्यांनी प्रवाशांचे प्राण वाटावपाक मदत करपी निर्णय खीणा भितर घेतल्याबद्दल त्यांनी कॅप्टन मच्छारची तोखणाय केली.BYTE

हॉस्पीटलातल्यान प्रधान मंच्यांकडे उलयताना कॅप्टन मच्छार यांनी सांगले की, १७ वर्षांचो विमान उड्डाणाचो अणभव जातुन ११ वर्सा कॅप्टन म्हणून केल्या कामाचो आसपाव आसा जाका लागुन तांका परिस्थितीचे गांभीर्य समजपाक आणि बेगोबेग पावलां उबारपाक मदत झाली. त्यांनी  सांगले की, ते देशापासून पयस आसले तरी देशाच्या संस्कृतीपासून पयस ना.

G20 150

अमेरिकेतल्या MILWAUKEE हांगा जाल्या जी-२० VEPAR मंत्र्यांच्या बसकेच्या समारोपा वेळार, भारतान जागतिक व्यापारातल्यो विकृती पयस करपाक डब्ल्यूटीओ-अनुरूप दृष्टिकोनाचे आवाहन केले . संरचनात्मक अतिरिक्त क्षमता आणि उत्पादनाचेर उलयताना, वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी म्हणले की, कांय अर्थव्यवस्थांमधल्यो व्यापार-विकृत करपी तेक्याक लागुन  डंपिंग आणि  किंमतवाढ जावुक शकता, याबद्दल खुपशा सदस्य देशांप्रमाण भारतय चिंतित आसा. अशे हुस्के डब्ल्यूटीओ-सुसंगत

उपाया वरवीच पयस करतात जातुन पुराव्यांचेर आधारित आणि न्यायालयीन पुनरावलोकनाच्या आधारान अँटी-डंपिंग आणि काउंटरव्हेलिंग शुल्कांचो आसपाव जाता. त्यांनी भर दिलो की, औद्योगिक क्षमता हो स्वतःच मुद्दा न्हय, तर जय  अनुदान आणि तेक्यान उत्पादनाचे भौगोलिक केंद्रीकरण जाता थंय विकृती निर्माण जावंक शकता.  आकडेवारी आणि डेटाची देवाणघेवाण विद्यमान यंत्रणेच्या अंतर्गतच जावुक जाय.  भारत ही जगातली सगळ्यात वेगान वाडपी व्हड  अर्थव्यवस्था आसून, देशांतर्गत मागणीचेर आधारित अर्थव्यवस्था १ अब्जावयर लोकाक सेवा दिता अशे सांगुन त्यांनी अधोरेखित केले की, जागतिक पुरवण साखळीतलो एक विश्वास पात्र दुवा म्हणून भारत डिझाइनपासून ते तयार माला मेरेन उत्पादन मूल्य साखळी तयार करता अशे ताणी सांगले

AUCTION 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींक भेट म्हणून मेळील्या वस्तूंच्या ई-लिलावाची आठवी आवृत्ती या महिन्याच्या ३१ तारखे मेरेन वाड्यल्या. संस्कृती मंत्रालयान सांगले की, या आवृत्तीमदी दिल्लीची वेगवेगळी तांसा दाखोवपी  ३० वेगवेगळ्या स्मृतीचिन्हांचो आसपाव आसा. या ३० स्मृतीचिन्हांमदी णव फोटो फ्रेम्स, नऊ स्मृतीचिन्हा आणि स मूर्ती आनी शिल्पकृतीं आसपावता . या संग्रहात दिल्ली

मेट्रोचे दोन मॉडेल्स, खेळांकडे संबंधित एक यादस्तीक, धार्मिक वस्तू, एक चित्र, कलाकृती आणि हस्तकलेच्यो वस्तू आसात.

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रावेल्यान आयक्तात

आता मुखावेल्यो खबरो

SEVA SANKALP 175

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, ईशान्य भारतात उदरगत पावोवपी येवजण–वरवीं ही नदर कशी चालीक लायल्या हाची एक देख आमी तुमचे मुखार सादर करतात.

समस्या ही केन्नाच थंयच्या भूंयवाठारा विशी नाशिल्ली. कितल्याशाच दशकां सावन 'अंतर' हें निमित्त मुखार सारून, ईशान्य भारताच्या उदरगतीक कळाव जातालो. एका फाटल्यान एक जोडणी जावपाक लागील्ल्यान हें चित्र आता बदलला. ब्रॉड गेज रेल्वेमार्ग अगर/तला आनी नाहर-लागुन मेरेन पावलो. उपरांत, सप्टेंबर 2025 वर्सा, ‘बैराबी-सैरंग’ मार्गांतल्यान आयझोल रेल्वे नेटवर्काक जोडले आनी मिझोरामाक पयली रेल्वे सेवा मेळ्ळी. ईशान्येकडलीं राज्यां आतां, भारतांतल्या सगळ्यांत नेटान उदरगत करपी वाठारांमदीं येतात. काश्मीराक मात, चड वेळ लागलो. उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे मार्ग, पुराय बांदपाक 28 वर्सां लागली. हो मार्ग चिनाब न्हंयेचेर बांदिल्ल्या, संवसारांतल्या सगळ्यांत उंच रेल्वे पुलावेल्यान वता. हो मार्ग जून 2025 वर्सा सुरू जाला आनी शियांच्या दिसांनी लेगीत उक्तो आसता. पयलीं पावपाक कठीण आशिल्ल्या सुवातांचेर, आतां सोपेपणान पावप शक्य जाला.

SINGH 95

निदान, उपचार आणि THERAPY यांसारख्या वैजकीय क्षेत्रांमदी रोबोटिक्स एक महत्त्वाचे साधन जातले अशे सोसायटी ऑफ रोबोटिक सर्जरी (SRS) च्या आंतरराष्ट्रीय परिषदेत उलयताना केंद्रीय विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री जितेंद्र सिंह हाणी म्हळा. रोबोटिक्स, आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स (AI) आणि नॅनोसायन्स अचूक आणि

वैयक्तिकृत भलायकी सेवे खातीर एक परिसंस्था निर्माण करतले अशे डॉ. सिंह हांणी म्हणाले.

IMD 50

भारतीय हवामान विभागान आज अरुणाचल प्रदेशात घोग्याच्या पावसाचो अदमास दिला . तसेच, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आणि त्रिपुरात विजांच्या कडकडाटासयत वादळ जावपाची शक्यता हवामान विभागान व्यक्त केल्या. आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, लक्षद्वीप, उप-हिमालयीन पश्चिम बंगाल आणि सिक्कीमातुय अशीच स्थिती उरपाची शक्यता आसा. हवामान विभागाप्रमाण कोकण आणि गोयातुय आज उष्ण आणि दमट हवामान आसु येता

SPORTS

जपानातल्या आइची-नागोया हांगा सुरु आशिल्या आशियाई खेळा सर्तीत भारताची भांगरापदकांची धाव कायम उरली. स्पर्धेच्या १३ व्या दिसा भारतीय खेळाडूंनी कुशळता, जिद्द आणि उत्कृष्ट खेळाचे दर्शन घडयत हॉकी, बॉक्सिंग, कुस्ती आणि तिरंदाजी या प्रकारांत वटट स भांगरा पदका जिंकली.

- निस्वार्थ सेवा ही भारताची संस्कृती आणि सभ्यता/विषयक मूल्यांच्या केंद्रस्थानार आसा अशे नवी दिल्लीत आयोजित '११ व्या संत ईश्वर सन्मान-२०२६' सुवाळ्यात उलयताना उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हांणी म्हणले
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी HANI कॅप्टन स्मित मच्छार हांचेकडे दूरध्वनी वेल्यान संवाद साधलो
- अमेरिकेतल्या MILWAUKEE हांगा जाल्या जी-२० VEPAR मंत्र्यांच्या बसकेच्या समारोपा वेळार, भारतान जागतिक व्यापारातल्यो विकृती पयस करपाक डब्ल्यूटीओ-अनुरूप दृष्टिकोनाचे आवाहन केले